**भारत ऊर्जा सप्तक- परिशदेचें उक्तावण**

**गोंयांत 2050 मेरेन 100 टक्के परंपरीक ऊर्जा निर्मितीचें उद्दीश्ट-मुख्यमंत्री**

ता. 27 जानेवारी 2026

बेतूल गोंय हांगाच्या इंडियन ऑईल कॉर्पोरेशनच्या वाठारांत आयज “भारत ऊर्जा सप्तक” परिशदेक सुरवात जाली. पेट्रोलियम आनी नॅच्युरल गॅस मंत्रालयान ह्या चार दिसांच्या परिशदेचें आयोजन केला. परिशदेत जगभरांतल्यान ऊर्जा क्षेत्रांतले तज्ञ, धोरणकर्ते आनी ऊर्जा क्षेत्रांतले उद्द्येजक सहभागी जाल्यात. परिशदेंत ऊर्जा विकास, आंतरराष्ट्रीय तेल, अर्थिक सुरक्षा, शाश्वत ऊर्जावाड आदी विशयांचेर चर्चा जातली.

परिशदेंत 75,000 ऊर्जा क्षेत्रांतले प्रोफेशनल्स, 700 प्रदर्शन स्टॉल्स, 11 थिमेटिक झोन आनी णव परस चड देशांची दालनां आसात. चर्चासत्रां, तंत्रज्ञान प्रदर्शन आनी समन्वय कबलाती वरवीं संवसारांत ऊर्जा विकासाच्या मळार सहभाग मजबूत करप आनी नवीन संशोधनांक प्रोत्साहन दिवप हो भारत ऊर्जा सप्तक परिशदेचो उद्देश आसा.

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी व्हिडियो संदेशा वरवीं परिशदेच्या उक्तावण कार्यक्रमात संबोधन केले. भारत ऊर्जा सप्तक परिशद ऊर्जा विकासाचेर चर्चा करपाक जागतिक व्यासपीठ आशिल्ल्याचें सांगलें. तांणी पेट्रोलियम उत्पादकांच्या मुखेल निर्यातदारकांमदी भारताची भुमिका स्पश्ट करतना मेक इन इंडिया, स्केल इन इंडिया आनी इनवेस्ट इन इंडिया धोरणा खाला संशोधन, रिफायनिंग, एलएनजी, शिपबिल्डिंग आनी पेट्रोकेमिकल्स क्षेत्रांत गुंतवणूकीची गरज उक्तायली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी भारत ऊर्जा सप्तक परिशदेंच्या माध्यमातल्यान ऊर्जा विकासाच्या मळार जागतिक व्यासपीठ उपलब्ध जाल्ल्याचे सांगून देशात प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला ऊर्जा संशोधनाच्या मळार सतत प्रयत्न चालू आशिल्ल्याचे सांगलें. गोंय राज्य शाश्वत विकासाच्या राष्ट्रीय धोरणाच्या धर्तेर हरित ऊर्जा, निल अर्थवेवस्था, पर्यटन, रोजगार आनी हेर मळार भर दिता, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. गोंयांत अर्थिक विकासा खातीर सकारात्मक आनी पोशक वातावरण आसा अशें सांगून तांणी आंतरराष्ट्रीय प्रतिनिधींक गोंयात गुंतवणूक करपाक येवकार दिलो.

परिशदेच्या उक्तावणाच्या कार्यक्रमाक केंद्रीय पेट्रोलियम आनी नॅच्युरल गॅस मंत्री श्री. हरदीप सिंग पुरी, युनायटेड अमिरातचे उद्द्येग आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. सुल्तान अहमद, कॅनडाचे एनर्जी एण्ड नॅच्युरल रिसोर्सिस मंत्री तिमोथी हॉडग्सन आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्लें.

उपरांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय तशेंच हेर पवेलिनांक भेट दिवन प्रदर्शनाची पळोवणी केली. वीजमंत्री श्री. दिगंबर कामत, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, मुख्यमंत्र्याचे सचीव अश्विन चंद्रु, लिगल मेट्रोलोजी सचीव संजीव गडकर, राज्यपालाचे सचीव अर्जुन मोहन हांणीय ऊर्जा प्रदर्शन दालनांक भेट दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/74

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.